**पारंपारिक नुस्तेमारांक नुस्ते सुकोवपाक प्लॅटफॉर्म दिवपाची येवजण**

ता. 22 ऑगस्ट 2024

नुस्तेमारी खात्यावतीन पारंपारिक नुस्तेमारांक नुस्ते सुकोवपाक कोलवा हांगा खात्याची माची (प्लॅटफॉर्म) भाड्यान दिवपाच्या येवजणेची अंमलबजावणी करपात येता.

पारंपारिक नुस्तेमारांक नुस्ते सुकोवपाक एका प्लॅटफॉर्मा खातीर वर्साक 1000/- रूपया भाडे आकारतात. अर्जदारान सुरक्षा रक्कम म्हुण एका प्लॅटफॉर्माक 100/- रूपया भरपाक जाय. नुस्ते सुकोवपाचे वट्ट 30 प्लॅटफॉर्म आसात.

ह्या येवजणेचो लाव घेवपाक इत्सुक आशिल्ल्या नुस्तेमारांनी विहित नमुन्यातले अर्ज मेळोवपा खातीर उपकार्यालय, नुस्तेमारी प्रकल्प, कोलवा, साश्ट हांगा भेट दिवची. विहित नमुन्यातले पुराय भरिल्ले अर्ज स्विकारपाची निमाणी तारीख 15 सप्टेंबर 2024 आसा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/431

--
-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.